**नाविकांक कळोवणी**

ता. 12 जानेवारी 2023

दोनापावलाच्या राष्ट्रीय दर्या विज्ञान संस्थेवतीन 13 ते 15 जानेवारी 2023 मेरेन न्हंयच्या उदकाचो अभ्यास करपात येतलो. 13 जानेवारीक तेरेखोल न्हंयत केरी हांगा आरोंदा पुलासकयल्या वटेनच्या वाठारात, 14 जानेवारीक शापोरा न्हंयत कोळवाळ हांगा कोळवाळ-धारगळ पुलाच्या वयले वटेनच्या वाठारात आनी जुवारी न्हंयत बोरी पुलाच्या सकयले वटेनच्या न्हंय वाठारांत आनी 15 जानेवारीक मांडवी न्हंयत कॅप्टन ऑफ पोर्टस जेटी पणजी आनी बेती मजगतच्या न्हंयच्या उदकाचो अभ्यास करपात येतलो.

ते खातीर वयल्या न्हंयांतल्यान येरादारी करपी सगळयों बार्जीं, प्रवासी लाँची, क्रुईज बोटी, उदकाखेळ बोटी, पनेळ, फेरीबोटीं, नुस्तेमारी बोटीं, आनी हेर यांत्रिकीं आनी बिनयांत्रिकीं नाविकांनी वयल्या दिसा खबरदारी घेवन सवकसायेन येरादारी करची. तशेंच गस्त बोटीकडल्यान मेळपी सुचोवण्यांक पाळो दिवचो, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्यान कळीत केला.

म्हा /सप ऑपे / विगां/ 2023/52

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.